**Date** : 15/03/2026 **6.30 PM**

पांच राज्यांचें आनी एका केंद्रीय प्रदेशाचें वेंचणुकेची घोषणा कर्पाखातीर आयज दिल्लींत केंद्रीय वेंचणूक आयोगान बसका घेतली . आसाम, केरळ, पुडुचेरी आनी तमिळनाडूंतली विधानसभा वेंचणूक एकाच पावन्द्यार जातली. जाल्यार अस्तंत बंगालांत विधानसभा वेंचणूक दोन पावन्द्यार जातली अशें केंद्रीय वेंचणूक आयोगान आयज जाहीर केलें. आयज दिल्लींत ह्या पांच राज्यांचें आनी एका केंद्रीय प्रदेशाचें वेंचणुकेचें वेळापत्रक जाहीर करतना मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी सांगलें, आसाम, केरळ आनी पुडुचेरीत 9 एप्रीलाक जाल्यार तमिळनाडूत 23 एप्रीलाक वेंचणूक जातली. अस्तंत बंगालांत फुडल्या म्हयन्याच्या 23 आनी 29 तारखेक मतदान जातलें. अस्तंत बंगालांतल्या पयल्या टप्प्यांत 152 जाल्यार दुसर् या टप्प्यांत 142 विधानसभा सुवातीनी मतदाना जातले.

इतले मजगती गोयच्या फोंडा मतदारसंघा जावपा आशिल्ली पोटवेचणूक 9 एप्रिलाक जातली अशे वेंचणूक आयोगान जाहीर केलें . ह्या सगल्या राज्यांतल्या मतदानाची मतमेजणी 4मेक जातली . वेंचणुकेचें वेळापत्रक जाहीर करपा वांगडाच ह्या राज्यांनी आनी संघराज्यांत 'आदर्श आचारसंहिता' आयच्यान लागू केल्या अशें मुखेल वेंचणूक आयुक्तनी सांगलें.

भारतीय राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणान 2026-27 वित्तीय वर्सा खातीर 'वर्सुकी फास्टॅग पास' दरान शुल्कांत सुदारणा करपाची घोशणा केल्या; ते प्रमाण सध्याचे शुल्क 3 हजार रुपयां वयल्यान 3हजार 075 रुपया मेरेन वाडयलां. रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्रालयान 75 रुपयांची अतिरिक्त शुल्क वाड फुडल्या म्हयन्याच्या एक तारखे सावन लागू जातली अशें जाहीर केलां. वैध 'फास्टटॅग' आशिल्ल्या आनी ताचे खातीर पात्र आशिल्ल्या बिगर वेवसायीक वाहनांक सुदारीत दर लागू जातलो अशें मंत्रालयान फुडें स्पश्ट केलां.

केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान 'पीएनजी आनी 'एलपीजी' ह्यो दोनूय जोडणी आशिल्ल्या घरांक रोखडेंच आपले एलपीजी जोडणी रद्द करपाचे निर्देश दिल्यात. खंयच्याय व्यक्तीककडे पीएनजी कनेक्शन आसल्यार ताका घरगुती एलपीजी कनेक्शन दवरपाक मेळचें ना आनी सरकारी तेल कंपनीं कडल्यान वा तांच्या अधिकृत वितरकां कडल्यान एलपीजी सिलिंडरांचें रिफिल करपाक मेळचें ना तशेच अशे पीएनजी कनेक्शन आशिल्ल्या व्यक्तींक फुडाराक नवे एलपीजी कनेक्शन मेळचें ना अशें जारी केल्ले अधिसुचोवणेंत मंत्रालयान सांगलां.

भाजपा सरकारान फाटल्या धा वर्सांत आसामाक ईशान्य वाठारातल्या भलायकी सेवा खातीर मुखेल केंद्र म्हूण विकसीत केल्या अशें केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी म्हणला .

ताणी शाहान आयज गुवाहाटींत 2हजार 90 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून काय प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसयलो.

अस्तंत आशिया वाठारांत फाल्यां सावन फुडल्या म्हयन्याच्या 10 तारखे मेरेन जावपा आशिल्ली बारावेची परिक्षा केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळान रद्द केल्या. तशेच 12 वेच्या परीक्षार्थ्यां खातीर निकाल जाहीर करपाची पद्दत योग्य वेळार जाहीर करतले अशें मंडळान फुडें सांगलें.तशेच ह्या म्हयन्याच्या एक ते णव तारखेमदीं जावपी स्थगीत केल्ली परिक्षाय आता रद्द केल्यात अशें मंडळान स्पश्ट केलां.

अस्तंत आशियांतल्या सध्याच्या संघर्शाचेर एकमत तयार करपा खातीर भारत ब्रिक्स वांगडी देशां कडेन सक्रीयपणान वावुरता अशें विदेश मंत्रालयाचे म्हण्यारे रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें.
मजगतीं, पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची जोड सचीव सुजाता शर्मा हांणी एलपीजी सिलिंडराचे गरज पडल्यारच बुकिंग करचें अशें आवाहन केलें.

आयकर खात्यान 2026-27 वर्साच्या मुल्यांकना खातीर 'आगाऊ कर ई-मोहिमे' खाला करदात्यांक धाडिल्ल्या कांय ई-मेला संबंदी स्पश्टीकरण जारी केलां. कांय करदात्यांक अशे ई-मेल मेळ्ळयात अशी म्हायती खात्यान एका निवेदनांत दिल्या. तातूंत चालू आशिल्ल्या आगाऊ कर ई-मोहिमेचो एक भाग म्हूण 'म्हत्वाच्या वेव्हारा संबंदी' म्हायतीचो चुकीचो उल्लेख केला. हो प्रस्न सोडोवपा खातीर सक्रीयपणान वावुरता आनी तोमेरेन करदात्यांनी हे मोहिमे संबंदीत आदल्या ई-मेलांक नदरआड करपाची मागणी खात्यान केल्या .

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन दिल्ली, चंडीगढ, हरियाणा, पंजाब, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड आनी जम्मू-काश्मीरांत गारो , गडगड आनी वीज पडपा खातीरचो orange alert जारी केल्या.

अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या झुजाक लागून एप्रीलांत जावपी बहरीन आनी साउदी अरेबिया ग्रॅण्ड प्रिक्स सर्त जावची ना अशें फॉर्मूला 1 कंपनीन जाहीर केलां.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे फुडले तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर -